आसामांत हुंवाराची परिस्थिती आजूनय गंभीर आसा, 29 जिल्ह्यांनी 16 लाखां वयर लोकांची जीण विस्कळीत जाल्या.

आयज कझाकस्तानांतल्या आस्ताना शारांत जावपी शांघाय सहकार संघटनेचे शिखर सभेत विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण करतले.

झारखंड मुक्ती मोर्चाचे कार्यकारी अध्यक्ष हेमंत सोरेन 7 जुलयाक झारखंडाचे मुख्यमंत्री म्हूण सोपूत घेतले.

* युनायटेड किंगडमांतले लाखांनी मतदार आयज जावपी म्हत्वाचे भौशीक वेंचणुकेंत देशाचो फुडलो प्रधानमंत्री थारावपा खातीर मतदान करतले.

* टी-20 विश्वकरंड क्रीकेट खिताब जिखपी भारतीय क्रिकेट पंगड आयज सकाळीं राष्ट्रीय राजधानींत पावतलो. बेरील चक्रीवादळाक लागून भारतीय पंगड बार्बाडोसांत आडकून उरिल्लो.

हुया हयो आशिल्ल्यो कांय मुखेल खबरो

ASSAM-FLOOD 210

आसामांत हुंवाराची परिस्थिती आजूनय गंभीर आसा, 29 जिल्ह्यांनी 16 लाखां वयर लोकांची जीण विस्कळीत जाल्या. फाटल्या 24 वरांत आनीक आठ जाणांक मरण आयलें आनी राज्यांत अंदू हुंवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 46 जाला. तीग जाण बेपत्ता आशिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया. हुंवाराक लागून 105 महसूल मंडळांतल्या वह 2800 गांवांचेर हुवाराचो परिणाम जाला आनी राज्यभरांतल्या 39,400 हेक्टरां वयर पिकावळीचे लुकसाण जालां. मुख्यमंत्री हिमंत विश्व सरमा हाणी व्हिडियो परिशदेवरवी सगल्या जिल्हो आयुक्तां वांगडा

हुंवाराच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो, आनी बचाव आनी मजत कार्यावळी जाता तितल्या बेगीन करपाचे निर्देश दिले. सरकारान 15 ऑगस्टा पयलीं लुकसाण भरपायेची रक्कम दिवपाचो निर्णय घेतिल्ल्यान हुंवार पिडीत लोकांचे सर्वेक्षण करपाचोय निर्देश मुख्यमंत्र्यांनी जिल्लो आयुक्तांक दिला. मुख्यमंत्री सरमा हाणी कामरूप जिल्ह्यांतल्या हुंवार पिडीत वाठारांकय भेट दिवन परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. संवसारीक दायज स्थळ काझीरंगा राश्ट्रीय उद्यानांत हुंवार आयिल्ल्यान 178 रान तपासणी चौकी उदकांत बुडून गेल्ल्यान रानवटी जनावरांचे शेजारच्या दोंगुल्ल्यांनी स्थलांतर जालां. जनावरांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर उद्यान अधिकाऱ्यांनी येरादारी डायव्हर्शन जारी केले. उद्यानांतल्यान जड वेपारी वाहनां व्हरपाचेर बंदी घाल्या. ब्रह्मपुत्रा, बराक आनी तांच्यो सगळ्यो उपन्हंयो धोक्याच्या पातळेवयल्यान व्हांवतात जाल्यार बुरहिडीहिंग न्हंय सगळ्यांत चड धोक्याच्या पातळेवयल्यान व्हांवता. हुंवाराक लागून फाटल्या 24 वरांत शंबर रस्ते, आनी 14 पुलांचे लुकसाण जालां. राज्य सरकारान 181 मजत शिबिराआनी 334 मजत वितरण केंद्रां सुरू केल्यांत. तशेंच राष्ट्रीय आपत्ती

प्रतिसाद दळ (एनडीआरएफ) आनी राज्य आपत्ती प्रतिसाद दळ (एसडीआरएफ) पंगडांकय बचाव आनी मदत कार्यावळी खातीर नेमल्यात.

STORY

आयज कझाकस्तानांतल्या आस्ताना शारांत जावपी शांघाय सहकार संघटनेचे शिखर सभेत विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण करतले. शांघाय सहकार संघटनेचे वांगडी देशांच्या मुखेल्यांच्या 24वे बसकेंत ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचें प्रतिनिधित्व करतात.

ह्या शिखर सभे वेळार फुडाऱ्यांनी फाटल्या दोन दशकांतल्या संघटनेच्या कार्यावळींचो नियाळ घेतले आनी बहुपक्षीय सहकार्याची स्थिती आनी संभाव्यताय हांचेर चर्चा करतले अशी आस्त आसा. प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय म्हत्वाच्या प्रसंगीक प्रस्नांचेरूय हे बसकेंत चर्चा जावपाची शक्यताय आसा.

काल डॉ. जयशंकर तशेंच आस्ताना हांगाच्या पुष्किन पार्कातल्या महात्मा गांधीच्या पुतळ्याचेरय ताणी आर्गा ओपली.

STORY

झारखंड मुक्ती मोर्चाचे कार्यकारी अध्यक्ष हेमंत सोरेन 7 जुलयाक झारखंडाचे मुखेलमंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. मुखेलमंत्री चंपाई सोरेन हांणी काल राज्यपाल सी पी राधाकृष्णन हांचेकडेन आपलो राजिनामो दिवन हेमंत सोरेन हांची मुखेलमंत्री म्हणून परतून येवपाची वाट मेकळी केली. हाचे उपरांत हेमंत सोरेन हांणी नवे सरकार घडोवपाचो दावो राज्यपालांक सादर केलो.

हेमंत सोरेन हांणी 31 जानेवारीक मुखेलमंत्री पदाचो राजिनामो दिल्लो, आनी कांय वरां उपरांत ताका सक्तवसुली संचालनालयान कथित जमीन घोटाळ्याच्या आरोपांत पयशे लुटपाच्या प्रकरणांत अटक केल्ली.

हेमंत सोरेनाक परतून मुख्यमंत्री करपाचो निर्णय झामुमो, काँग्रेस आनी राजद हांचो आस्पाव आशिल्ल्या INDIA ब्लॉक आमदारांच्या बसकेंत काल जालो.

STORY

आयज सकाळीं 5,696 अमरनाथ यात्रेकरुंचो आनीक एक गट खर सुरक्षेसयत जम्मूच्या भगवतीनगरांतल्या यात्री निवास बेस अमरनाथ यात्रखातीर मायर मरला कॅम्पांतल्यान काश्मीर, देगणांत गेलो. हातूतले १,५९१ दादले ३६० बायलो, ५

भुरगीं, ६४ साधू आनी ८ साध्वी बाल्टाल बेस कॅम्पांत, जाल्यार २८९६ दादले, ६५१ बायलो, ५ भुरगीं, १०३ साधू आनी १३ साध्वी पहलगाम बेस कॅम्पांत गेले. देगणांतल्या दोन बेस कॅम्पांतल्यान ते काश्मीर हिमालयांतल्या पवित्र अमरनाथ गुफे कडेन वतले.

STORY

युनायटेड किंगडमांतले लाखांनी मतदार आयज जावपी म्हत्वाचे भौशीक वैचणुकेंत मतदान करतले. भारतीय प्रमाण वेळा प्रमाण दनपारां 12:30 वरांचेर मतदान सुरू जातलें आनी फाल्यां सकाळीं 03:30 मेरेन मतदान चालू आसतलें. मतदान सोंपले की देशाचो फुडलो प्रधानमंत्री थारावपा खातीर मतां मेजपाची प्रक्रिया सुरु जातली.

देशांतली मुखेल लढत प्रधानमंत्री सुनक हाचो कंझर्व्हेटिव्ह पक्ष आनी लेबर पार्टीचे तांचे विरोधक सर केयर हांचे मजगती जाता. मतदारांचो तेंको मेळोवपा खातीर फाटल्या कांय दिसांनी दोनूय पक्षांनी नेटान प्रचार केलो. मतदार नवे सरकार वैचतले तशेंच प्रधानमंत्री ऋषी सुनक हांच्या 20 म्हयन्यांच्या कार्यकाळाचेरूय आपलो निर्णय दितले म्हणून ही वैचणूक म्हत्वाची आसा. सुनकाचो कंझर्व्हेटिव्ह पक्ष ब्रिटनांत 2005 वर्सा सावन सत्तेर आसा. राजकी विश्लेशकांनी मुखेल विरोधी लेबर पक्ष कंझर्व्हेटिव्ह पक्षाक धपको दिवपाचे वाटेर आसा अशी सुचोवणी केल्या.

इंग्लंड, उत्तर आयर्लंड, स्कॉटलंड आनी वेल्स ह्या चार घटक देशांतले मतदार 650 संसदीय मतदारसंघांखातीर मतदान करतले. 2019 वर्सा फाटले खेपे भौशीक वेंचणूक जाल्ली तेन्ना 67.3 टक्के मतदारांनी मतदान केल्ले.

STORY

स्मार्ट सिटी मिशन खाला देशातल्या शंबर शारांनी आपल्या वट्ट उदरगत प्रकल्पांतले 90 टक्के प्रकल्प पुराय केल्यात अशें सरकारान सांगलां. ह्या प्रकल्पांचे वट्ट मोल एक लाख 44 हजार कोटी रुपया परस चड आसा. स्मार्ट सोल्युशन्साच्या वापरा वरवीं आपल्या नागरिकांक उदरगत अशी मुळावी बांदावळ आनी सभ्य जिणेचो दर्जो, नितळ आनी टिकावू वातावरण दिवपी शारांक चालना दिवपा खातीर हैं मिशन 2015 वर्सा सुरू केल्लें. उरिल्ले धा टक्के प्रकल्प पुराय करपाक आनीक कांय वेळ दिवपा खातीर मिशनाक कांय राज्यां आनी शार सरकाराच्या प्रतिनिधीं कडल्यान जायत्यो विनवण्यो आयल्यात, ह्या विनवण्यो लक्षात घेवन मंत्रालयान हे शिल्लक प्रकल्प पुराय करपा खातीर मिशन काळ 31 मार्च 2025 मेरेन वाडयला अशे घरां आनी शारी वेव्हार मंत्रालयान सांगलें. उरिल्ले 19 हजार 926 कोटी रुपया 830 प्रकल्प पुराय जावपाच्या प्रगत पांवड्यार आसात.

MD RAINFALL 70

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 4 ते 5 दिसांत उत्तर उर्देत भारताचेर व्हड ते घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या पांच दिसांत केरळ, लक्षद्वीप, दर्यादेगेलागसार कर्नाटक, गोंय, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, तमिळनाडू आनी तेलंगना ह्या राज्यानीय मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच आयतार मेरेन जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी हरियाणाचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

T20 WC Pavode 145

टी-20 संवसारीक करंड सर्त जिखपी भारतीय क्रिकेट पंगड आयज सकाळी नवी दिल्ली पावलो सर्तीचो फायनल जाल्ल्या बार्बाडोसासावन हो पंगड भारतात येला बेरील आमला चक्रीवादळाक लागून भारतीय पंगडाक परत येवपाक कळाव जालो. राजधानींत जैतिवंत पंगडाक येवकार दिवपा खातीर क्रिकेट मोगी व्हडा संख्येन जमपाची अपेक्षा दवरून दिल्ली पुलिसांनी फावो ती सुरक्षा वेवस्था केल्या. भारतीय पंगड मुंबय  वचचे पयलीं आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची तांच्या निवासस्थानार भेट घेतलो.

उपरांत आयज सांजवेळा मुंबयंत जैतिवंत पंगड उक्त्या बसीत जैताचे मिरवणुकीत वांटो घेतलो अशी म्हायती भारतांतल्या क्रिकेट नियंत्रण मंडळाचे सचीव जय शाहान दिली. नरीमान पॉयंट सावन वानखेडे स्टेडियम मेरेन सांजवेळा 5 ते 7 वरां मजगतीं ही जैताची मिरवणूक जातली. ताचे उपरांत वानखेडे स्टेडियमांत अभिनंदन सुवाळो जातलो आनी थंय बीसीसीआय भारतीय पंगडाक इनामा भेटयतले. टी-20 संवसारीक करंड जिखपी भारतीय क्रिकेट पंगडाच्या रोड शो खातीर पुलिसांनी विस्तारान सुरक्षा वेवस्था केल्या. परेड आनी अभिनंदन सुवाळ्या खातीर व्हड प्रमाणांत क्रिकेट मोगी जमपाची शक्यताय आसा.

Wimbledon 130

विंबल्डन टेनिस सर्तीत काल राती लंडनांत जाल्ल्या दादल्यांच्या दोट्टी गटाच्या पयल्या फेरयेंत भारताचो रोहन बोपन्ना आनी ताचो ऑस्ट्रेलियन साथीदार मॅथ्यू एबडेन हांणी डच जोडी सँडर एरेंडस आनी रॉबिन हासे हांचेर 7-5, 6-4 अशे जैत मेळोवन आपली मोहीम सुरू केली. दुसऱ्या फेरयेत तांकां हेंड्रिक जेबेन्स आनी कॉन्स्टंटीन फ्रांट्झन हांच्या जर्मन जोडयेक तोंड दिवचें पडटलें

पूण दादल्यांच्यादोट्टी गटाच्या सुरवातीच्या फेरयेंत भारताचो सुमित नागल आनी ताचो सर्बियन जोडीदार दुसान लाजोविच हांकां सरळ सेटांनी हार खावची पडली. स्पेनाच्या पेद्र मार्टिनेज आनी जौमे मुनार हांच्या कडेन ही जोडी 6-2, 6-2 अशी हारली. ताचे आदीं सर्बियेच्या मिओमिर केकमानोविच कडेन हारून सुमिताचे दादल्यांच्या एकोड्या गटात सर्तीच्या पयल्या फेरयेंत आव्हान सोपले

आयच्या खेळात दादल्यांच्या दोट्टी गटात भारताचो युकी भांबरी आनी ताचो फ्रांसाचो जोडीदार आल्बानो ऑलिव्हेटी हे कझाकस्तानाच्या अलेक्झांडर बुब्लिक आनी अलेक्झांडर शेवचेन्को हांचे जोडिये आड खेळटले.